• भरत नायक •

बेकार कवी लाखां धनी

बेकार कवी लाखां धनी

भरत नायक

बेकार कवी लाखां धनी

© **लेखक :** भरत नायक

प्रकाशन क्रमांक : 160

1996

प्रकाशक :
प्रभाकर द. भिडे
राजहंस वितरण, 1-मीनाक्षी बिल्डिंग,
डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी - 403 001

छपाई :
राजहंस ऑफसॅट, पणजी.

मुखपृष्ठ आनी सजावट :
दीपक पेडणेकार

मोल :
1996 - 18/- रुपया
1997 - 18/- रुपया
1998 - 20/- रुपया

ISBN 81-85854-59-9

बेकार कवी लाखां धनी

(कवी कविता करता)

कवी : आयज हांव चान्ने न्हालों.
पुनवेचें चान्ने न्हालों.

मामी : (भायर येवन) दिसभर कविताच करतले काय घरांत मात्शें तरी लक्ष दितले ?

कवी : (आपलेच तंद्रीत) चंद्रिमाचो शाबू लावन भांगराचें उदक न्हालों...

मामी : कपड्यांचो शाबू आंगाक लायतली म्हळ्यार तोय ना घरांत, आनी तुमी चंद्रिमाचो शाबू लायतले.

कवी : ... म्हाका कितें म्हळें ?

मामी : ना. ह्या वण्टींक, ह्या दारांक सांगतां हांव.

कवी : हय? हांव समजलों म्हाका सांगता म्हणून- 'भांगराचें... उदक न्हालों... उदक न्हालों...'

मामी : पुरो आता ! तुमकांच सांगतां हांव.

कवी : म्हाका सांगता ! म्हाका दिसलें सदचेवरी तूं फुटक्या आयदनाकडेन आनी पिजक-या कपड्यांकडेन उलयता म्हणून.

मामी : म्हज्या कपड्यांकडेन तुमचें लक्ष नाच. त्या शोभाक तरी पळयशात काय ना, तकली वयर करून ? तें कॉलेजीक वचना म्हणटा.

कवी : किते ? कॉलेजीक वचना म्हणटा ? आपय ताका. शोभाऽऽ, हांगा यो. (शोभा येता) कित्याक वचना कॉलेजीक ?

शोभा : म्हाका विस्तीद ना.

मामी : आतां न्हेसलां तें कितें तर, धोंतर ?

मामी : तोंडाक सामकोच सुवाद नाशिल्लेबशेन उलयतात तुमी. हो विस्तीद घालून तें कॉलेजीक वतलें ?

कवी : सदां घालता तो विस्तीद कितें जालो ?

शोभा : कालूय तोच घातिल्लो हांवे.

कवी : दिसाक एक विस्तीद जाय तर तुका ?

शोभा : सदां एकूच घालूं तर हांव ?

मामी : तुमकां म्हणून मात कळना. वाडिल्लें चली. लज दिसना तर ताका सदां-सदां तोच विस्तीद घालपाक ! वांगडचीं हांसतात म्हज्या पोराक. तुमकां चलता तें. एक खादीचो सदरो घालून तुमी सगळें गोंय भोंवतात.

कवी : बरें-बरें. तें नाका तुका. म्हजो सदरो कित्याक वयर काडलो? आयचो दीस न्हेस गो तू. फाल्यां पळोवचें.

शोभा : अूं... ! कालूय अशेंच सांगिल्लें. (पांय आपटीत भितर वता)

मामी : कसलें दळडीर लागलां म्हणून कोण जाणा ह्या घराक !

कवी : आगे-आगे कित्याक अभद्र उलयता ?

मामी : आनी कितें म्हणू तर ? जेवणाखातीर रड सदांच आसा. एकूच अपुर्बायेचें चली तिका मनासारकें न्हेसोवपाक लेगीत तुमचेकडेन जायना. कविता करतात ! कविता करून संवसार चलिल्लो जाल्यार सगळो संवसारूच कवितेफाटल्यान धांवतलो आशिल्लो. काय बरी नोकरी आशिल्ली ती सोडली आनी कविता करूंक रावल्यात घरा.

कवी : आगे, पूण ताणे काडलो नोकरेवेलो जाल्यार हांव कितें करूं? गोमटेक घांस मारूं ताज्या ?

मामी : तुमचें लक्ष आशिल्लें कामाचेर? कामार पासून तुमच्यो कविता. मागीर, काडचेनात कित्याक तुमकां?

कवी : आयचो दीस तुजी साडी दी ताका न्हेसूंक. फाल्यां पळयतां हांव काय बरीं कवनां सुचतात - 'आयज हांव चान्ने न्हालों...

चोर : (भायल्यान दारार मारून) कोण आसा घरांत ?

कवी : हो आनी कोण आयलो सकाळी फुडें.

मामी : कोण म्हणून आसा! सदचेंच तें. दीस उजवाडलो न्हय. आता एक एक येत रावतले बिलां घेवन : दूदकार, पसरकार, हॉटेलकार हार-तुरे घेवन रावात तांचें स्वागत करपाक. (वता)

कवी : दूदकार उलो केन्ना मारना !

चोर : (भायल्यान) कोण आसा काय ना ?

कवी : आयलों, आयलों. हें नवेंच कसलेंतरी बील आसतालें. परमेश्वरा पावरे !

चोर : (भायल्यान) मात्शें दार काड पळोवया.

कवी : काडटां रे सायबा. मात तरी थार धर. हांव वतां पळून काय घर वता उडून? (दार उघडटा)

चोर : थँक्यू... भितर आयल्यार जाता?

कवी : येयात येयात ! जाय तशे येयात !

चोर : मात्शें दार बंद करतां आं- (दार धांपता)

कवी : दारशें कित्याक बंद करूंक जाय ? आरे, खिळीय घाली मरे तुवें !

चोर : शूऽऽऽ ! बोवाळ नाका. पांच मिनटांचें काम.

कवी : खिळी घालून करिसर कसलें काम तर तें ?

चोर : मात्शें सोसून धर. रोकडें जातलें.

कवी : आरे पूण-

चोर : शूऽऽऽ ! घरांत आनीक कोण आसा ?

कवी : (व्हडान) जायते आसात घरांत.

चोर : हळू उलय. हांव बसूं हांगा ?

कवी : बऱ्याक आयला जाल्यार बस.

चोर : म्हज्या बऱ्याक. (बसता) आ... ! सगळ्यांक हांगा आपय.

कवी : कितें ? सगळ्यांक आपोवं ? तुजें काम सगळ्यांकडेन आसा काय एकट्याकडेन?

चोर : कोणाकडेन ना.

कवी : तशें जाल्यार चलूंक लाग.

चोर : ये- (बचकुलाक घरता) चड बडबड नाका. म्हाका बेगीन वचूंक जाय. आयच्या दिसा आनीक दोन घरां पोशार करचीं आसात. आपय सगळ्यांक.

कवी : (व्हडान) आगे, शोभाक घेवन मात्शी भायर यो पळोवया. (भियेला) दिलीप, मनू, राजा, शांता, सगळे हांगा येयात रे. आनी ते मानाय कृष्णा, लक्ष्मण, तांकांय आपयल्यात म्हणून सांग.

मामी : (येता) आसो ताळो खपरीपर कितें जालां तुमचें - आवयस हो कोण?

शोभा : (येता) कोण आयला पापा ? आवयस - मिलनाचो लवर !

मामी : कोण मिलन गो ?

शोभा : तें गे ममी, इतलें भांगर घालता तें. काल ताका टॅक्सींत घेवन गेल्लो हो.

चोर : शट अप्. हांव कोणाचो लवर न्हय. अशीं बसात हांगा- (दोगांय बसतात) तुमीय बसात. (कवी बसता) बाकीचीं खंय?

मामी : आनी बाकीचीं कोण ? आमी तिगांच. आमकां एकूच अपूर्बायेचें चली.

चोर : ए मिस्टर, म्हाकां शेंडी लावंक सोदतालो ? हें पळयलां? (सुरो दाखयता. सगळीं किळांच मारतात.)

मामी : आवयस !

शोभा : सुरो !

चोर : बसात हांगा. बसात ! (सगळीं बसतात)

कवी : म्हाका दुबाव मारिल्लोच तूं चोर आसतलो म्हूण.

चोर : तिजोरी खंय आसा ?

कवी : तिजोरी !

मामी : फुटल्या...

चोर : उपकारता - खंय आसा ?

शोभा : आमगेर तिजोरी ना रे.

चोर : आंगावयल्यो सगळ्यो वस्ती खंय दवरल्यात तर?

मामी : वस्ती... ! तूं चोरूंक येतलो म्हूण कळिल्लें जाल्यार दवरतली आशिल्लीं सांबाळून.

चोर : बेगीन कर. म्हाका वचूंक जाय. ये मिस्टर, तिजोरेची चावी दी.

कवी : आमगेर तिजोरी नारे म्हज्या अपुर्बायेच्या चोरा.

चोर : तिजोरी ना जाल्यार आलमारीची चावी दी. कोणाच्या आंगार वस्ती ना म्हण्टकूच त्यो आलमारींतूच आसूंक जाय. दी पयली आलमारिची चावी. (सुरो तेंकयता)

कवी : (चावी दिता) घ... घ... घे. ती पळय आलमार.

चोर : (आलमारींत सोदून येता) तांतूत सगळीं पुस्तकां भरल्यांत. भांगर खंय आसा ?

कवी : तीं पुस्तकांच म्हजें भांगर.

चोर : ये- फकणां कोणाचीं करता जाणा ?

कवी : चोराचीं.

चोर : भितर कितें कितें आसा ?

कवी : फकत आयदनां, रांदपाचीं. फुटकीं तीं तुका व्हर, बरीं तीं दवर.

चोर : शटअप्.

कवी : नाका - नाका. सगळींच घेवन वच.

चोर : सारकें सांग. नाजाल्यार हो सुरो तुज्या पोटांत वतलो. (सुऱ्याचें पोत तेंकयता.)

कवी : आ... (तांच्योय किळची)

चोर : खंय आसा तिजोरी?

कवी : सांगतां - सांगतां.

चोर : सांग बेगीन.

कवी : हां... (याद जावन) तिजोरी ... तिजोरी ... आसा. सुरो बोल्सात घाल. सगळें सांगतां.

चोर : (सुरो बोल्सांत घालता) हां - आतां सांग.

कवी : बस सांगतां. (आपूण उठठा)

चोर : तूंय बस (दोगूय बसतात).

कवी : आमची एकूच तिजोरी आसा. खूब पोरनी, पूण खूब मोलादीक.

चोर : तिजोरी कितल्याय मोलाची आसूं. तांतूंत भांगर कितल्या मोलाचें आसा तें सांग.

कवी : त्या भांगराचें मोल करू नज.

चोर : सगळ्यो कितल्यो वस्ती आसतल्यो ?

कवी : तुज्यान मेजू नजो इतल्यो.

शोभा : खरेंच पापा?

मामी : आमकां मात लिपोवन दवरलें आयज मेरेन. आनी चोराक सांगलें. हांव नकळ आशिल्लें तुमी इतले कवडिचुंबक म्हणून.

कवी : हय. तुमकां हांवें ती केन्ना दाखयलीच ना. इतल्या लाखांचें धन हांवें तुमच्यापासून लिपोवन दवरलें, हाजें म्हाका खरेंच आता दूख भोगता. पूण आयज ह्या चोराक हें सगळें दाखोवचें पडलें. नाजाल्यार तो म्हज्या पोटांत सुरो घालतलो.

मामी : जोड जोड जोडलें आनी चोरा हड्ड्यार फोडलें. आमी हांगा काडटात ओडी.

शोभा : म्हाका मात एकपसून वस्त दिलिना घालपाक.

मामी : हय धुवे, आतां म्हाका पश्चाताप जाता ताजो. हांव लाखांचो धनी आसुनूय तुमकां दळडिरी जीण जगचें पडलें.

शोभा : पूण कित्याक पापा, आमकां कित्याक दिलेंना तें भांगर?

मामी : इतली गिरस्तेकाय आसताना आमकां कित्याक अशीं भिकाऱ्याचे दशेक पावयलीं?

शोभा : अशें कित्याक केलें पापा?

कवी : ना धुवे, हांव त्या वस्तीक, त्या भांगरांक हात लावंक शकना. म्हज्या मालकिचीं न्हय तीं भांगरां. हांव फक्त त्यो वस्ती दोळे भरून पळोव शकतां, पूण हात घालू शकना.

चोर : चावी दी बेगीन. म्हज्यान रावूं नजो.

कवी : चावी ना तिका. उगतीच आसा.

चोर : खंय आसा? म्हाका दाखय बेगीन.

कवी : घरांत ना ती. भायर आसा.

चोर : भायर आसा ?

शोभा : तरीच, पापा सदां रातचो उठून भायर बसता.

मामी : तिजोरी पुरून दवरल्या ती राखूंक बसताले दिसता. आतां फोड ती ताजे तकलेर. आनी तुमी कपलार हात दवरून बसात.

चोर : (कवीक धुकलता) चल, भायर. दाखय म्हाका.

कवी : ती आतां सांपडपाची ना.

चोर : म्हणचें ?

कवी : त्यो वस्ती रातच्या काळखांतूच चकचकतात. दिसाची ती सोदल्यार लेगीत मेळपाची ना.

चोर : मागीर हांव कितें करूं?

कवी : तूं रातचो धांक सुमार यो आनी सगळ्यो वस्ती घेवन चल.

शोभा : ये चोरा, आमकां थोडेंतरी दवरतलो मरे ?

मामी : म्हाकां एक चपलाहार, एक माळ, दोन पाटल्यो, चार कांकणां, एक बाजुबंद आनी पाच-स मुदयो, इतलेंच पुरो.

शोभा : म्हाकां एक भांगतिळो, नाकां, हांव म्हाकां जाय तें काडटां रे, बाकीचें सगळें तूं व्हर.

चोर : ये - मिस्टर, म्हाका बनोवपाचो यत्न करू नाका. ह्या सुऱ्याक पळय (सुरो तेंकयता)

कवी : ना. खरेंच, तुज्या बायल-भुरग्यांचो सोपूत घेवन सांगतां.

चोर : कितें म्हणटा ? (सुरो तेंकयता)

कवी : ना-ना. म्हज्या... म्हजे बायलेचो आनी हे धुवेचो सोपूत घेवन सांगतां.

चोर : कितें सांगता सोपूत घेवन?

कवी : सोपूत घेवन सांगतां की लाखांनी वस्ती भरिल्ली तिजोरी म्हजेकडेन आसा, ती भायर आसा, ती फक्त रातचीच दिसता आनी आयज ती हांव तुकां दितलों.

चोर : तशें जाल्यार हांव रात पडसर हांगाच बसतां.

कवी : हांगाच रावतलो ?

शोभा : रात जायसर ?

मामी : आनी जेवतलो बी खंय ?

चोर : तुमी रांदून वाडूंक जाय म्हाकां हांगाच. कोणाक भायर वचूंक मेळचेंना, कोणाक भितर येवंक मेळचेंना.

शोभा : आमी भितरूच रावप दिसभर ?

मामी : बाजारांत वचून जेवणाचें सामान हांडूक जाय.

चोर : कांय गरज ना. आसा तें खावपाचें आनी दिस काडपाचो.

कवी : हांव मात्सो त्या संपादकाकडेन वचून येतां, ताणे म्हाकां कविता घेवन आपयल्लो.

चोर : गरज ना. फाल्यां वच. चलात, लागात कामाक. आनी एक लक्षांत दवरात. कसलीच हुशारी करशात, जनेलांतल्यान सकल देंवपाचो, पुलिशेक कळोवपाचो येत्न करशात जाल्यार हांव मेळटा ताका सुरो तोपून मारतलों. (दूदकार दारार मारता) आतां आनी कोण आयलो ! ये. कोण आयला भायर?

कवी : हांव पळयतां -

चोर : गरज ना. घरांतलो कोण भायर बी गेल्लो आसा जाल्यार सांग.

कवी : कोण ना.

चोर : (दाराकडेन वचून) कोण रे? (भायल्यान दारार) कोण भायर ? (भायल्यान दारार)

कवी : दुदकार, दुदकारच तो.

चोर : तुका कशें कळळें?

कवी : कोण जाप दिना जाल्यार दुदकारूच तो. तो केन्नाच जाप दिना. दार काडल्या उपरांत एकदम भितर सरता आनी पयशे मागता.

चोर : जाप कित्याक दिना ?

कवी : दुदकार म्हूण कळळ्यार हांव दार काडचोंना म्हणून. (भायल्यान दारार मारता)

मामी : हांव सांगतां, पुलीस आसतलो तो-

चोर : पुलीस!

(मामी कवीक दोळो मोडटा)

मामी : सकयले माळयेर एक पुलीस रावता. तो केन्नाय येता खबरेक. तोय असोच करता. कोण काय म्हळ्यार जाप दिना.

कवी : (बळयां) जायत जायत. तोच तो. ये चोरा, तो आयला जाल्यार तुजी कशीच धडगत ना. फाटले खेपे त्या शिरवयकारागेर आयिल्लो असलोच चोर. ताका ताणे असो बडयलो...

मामी : (नाटक) म्हणटा म्हणून ताणे चडून माल्लो आं ! तोंडातल्यान रगत येसर मारप म्हळ्यार कितें? पुलिसाचेंय म्हणून नाका जाल्लेंच त्या.

कवी : आगे तो आसाच तसो. धिप्पाड. हाजेपरस डबलीन आसतलो. तो मार ताका कांयच न्हय. तोंडांतल्यान रगत पयल्याच थापटान आयिल्लें ताज्या. हाडां कितली मोडलीं तीं पळयली मगे तुवें ?

मामी : आवयस ! म्हयनोभर हॉस्पीटलांत उरलो खंय.

कवी : आनी वर्सभर कादयेंत. हाका तो कांयच न्हय करून मारतलो.

मामी : ये चोरा, तूं आतां जनेलांतल्यान सकयल देंवून पळळ्यार सुखाक पावतलो.

कवी : दुसरे फावट केन्नाय यो. हांव चार पयशे करून दवरतां.

चोर : दार उगतें करप ना. वचूंदी ताका खुटखुटावन.

कवी : तशें केलें जाल्यार ताका चडूच दुबाव मारतलो. दाराक भायल्यान खिळी घालूना, म्हण्टकूच आमी भितर आसात हें कळपाइतलो तो शाणो आसा. दार काडीना जाल्यार भलतोच दुबाव घेवन तो दार फोडपाक पसून फाटीना.

मामी : तूं पळ्ळ्यार बरो जनेलांतल्यान. हांव जाय जाल्यार दोरी घालून दितां.

कवी : आमी तुज्याच बऱ्याक सांगतात. तुका बंदखणीत वचपाची खाज आसा जाल्यार तुजी मर्जी. (दुदकार दारार मारून लिपता.)

चोर : (कवीक) तूं दाराकडें वचून ताका जाप दी. आपूण मात्सो कामांत आसा. फाल्यां मेळुया म्हणून सांग.

कवी : पूण...

चोर : (सुरो दाखयता) बेगीन चल. (ताका दारांकडें व्हरता)

(शोभान इतलो वेळ येवजून काडलेली माण्णी.)

शोभा : पापा-पापा वरां कितलीं जाली.?

कवी : (चोराक) कितलीं जालीं वरां ?

चोर : सवाणव जालीं.

शोभा : पापा, बेगीन दार काड.

कवी : कित्याक गो ? सवाणवांक दारां उगतीं केल्यार नशीब उगतें जाता?

शोभा : तो वतलो पापा, बेगीन दार काड.

कवी : जाच्या हातांत सुरो, ताच्या हातांत दार.

(शोभा दार काडूंक वता. चोर ताका ओडून फाटी काडटा)

शोभा : ममी, दार काडूंक सांग गे ताका.

मामी : कित्याक गो पूण?

शोभा : ताणे येतां सांगिल्लें ममी.

मामी : कोणे गो ?

शोभा : तो गे ममी - आमच्या कॉलेजींतलो.

मामी : कॉलेजींतलो ? कोण गो तो ?

शोभा : प्रताप.

कवी : कॉलेजींतलो प्रताप ? तो कोण तुजो ?

शोभा : तो म्हजो... म्हजो फ्रँड.

कवी : जालें ? कॉलेजींत वचून हे उद्योग करूंक लागलें तूं? तरीच, तुका ह्या दिसांनी नवे नवे विस्तीद जाय.

मामी : हय ! जाय म्हळें म्हणून तुमी थोडे ह्याडून दिल्यात ताका?

कवी : तूं आनी ताजो पाखो घेवं नाका. घरांकडेन घेवन येसर कसल्यो भानगडी ताज्यो?

शोभा : तो आपूण जावन येवना पापा. हांवे ताका यो सांगिल्लें.

कवी : तरीच ! त्याचखातीर आयज कॉलेजींतलें घरा रावलें तूं. निमीत मात विस्तीदाचें.

मामी : जाता कितें घरांकडेन आयल्यार ? घरांत आयिल्ल्याक आता धांवडावन घालतले तुमी ?

कवी : कसली रीत ताजी घराकडें आफोवपाची ? सांग, कित्याक आफयलो ताका हांगा ?

शोभा : हांवे ताचेकडेन सरपळी दिल्ली पापा.

कवी : ती परतून तुज्या हड्ड्यार घालपाक आयला जाल्यार घे ताका भितर. कित्याक दिल्ली सरपळी ?

शोभा : विकूंक पापा. तो पयशे घेवन येतलो आतां.

कवी : विकूंक ? सरपळी विकूंक ? पूण तुजेकडें सरपळी (ताका ताजी माण्णी समजता) आं... सरपळी, तुज्या गळ्यांतली ती सरपळी विकपाइतल्यार भानगड पावली तुजी ? कित्याक विकली सरपळी ? सांग, कित्याक विकली ?

शोभा : म्हाका काकान घातिल्ली ती ?

कवी : घालूं काकान. म्हणून विकूंक जाय आशिल्ली ? कितें फाल्त आसा म्हणून सरपळी विकली ? सांग पयलीं.

शोभा : टर्म-फी भरूंक जाय, आनी म्हाकां दोन विस्तीद शिवूंक जाय. तुमी मागल्यार दिनात.

मामी : आशिल्लें भांगर पुरून दवरलें. मागल्यार एक दमडी दिनात. मागीर गळ्यांतलें विकचेंना जाल्यार कितें करतलें तर तें ! ताका म्हणून खर्च ना? आतां आनी ताजो खर्च वाडला जातलो. तो मोडटा मगो कितेंय?

शोभा : हय ममी ! तो खूप श्रीमंत ममी. बोटाक येद्दी मोठी मूदी घालता, खऱ्या हिऱ्यांची. गळ्यांत मगे ममी स पोवनांची सरपळी घालता आनी

भांगराच्या पट्याचें घड्याळ घालता ममी.

मामी : बापूय कितें करता गो ताजो?

शोभा : भायर आसता ममी. हो एकलोंच पूत. घरांतले सगळें होच करता ममी, येदे-येदे नोटींचे कवळेच बोल्सांत घेवन भोंवता तो. जाणा ममी, हांव सरपळी विकतां म्हणून काल तो म्हाका बिस्कूत दितालो.

मामी : बिस्कूत शी कित्याक गो ?

शोभा : भांगराची बिस्कूत गे ममी.

कवी : मागीर, घेतलिना कित्याक ?

शोभा : हांवे सांगलें, मागीर तुकां जाय तें दी म्हणून.

मामी : बरें केलें. बाय गुणाचेंच तें.

कवी : कसल्या गुणाचें? घेतिल्ली जाल्यार आयज सगळीं बिलां फारीक जावची नाशिल्लीं ? मागीर एके बिस्कुतेक दोन व्हरूं आशिल्ल्यो ताणे.

मामी : पुरो ! तुमच्या भांगराक खंय हात लावंक जायना, आनी कशे दितले आशिल्ले?

कवी : आगे हात लावंक जायना. म्हणचें कितें ! एकदा हाच्या गळ्यांत मणी पडलो की मागीर म्हज्यान ताजें कितेंय करू येता.

मामी : हें कालपयर सांगचें न्हय ? तुमच्या भंयान ताणेय बाबड्यान आपली गजाल लिपोवन दवरली.

शोभा : ममी आता कशेंय करून दार काडूंक जाय. नाजाल्यार तो म्हजेर रागार जातलो.

कवी : (हळूच पूण चोराक आयकूंक येताशें) आतां वचूंदी गो ताका भायले भायर. ह्या चोरान ताजें सगळें भांगर आनी पयशे काडून घेतले जाल्यार ती सरपळीय फुकट वतली आमची. ताका फाल्यां समजावं येता.

शोभा : हय पापा.

चोर : ये कवी, भायर कोणूय आसूं - हांव दार उघडटलोंच.

शोभा : (काकुळटेक येता) नाका रे चोरा, ताका वचूंदी रे. फाल्यां येवंदी ताका.

कवी : वगीच ताजी आनी आडखळ नाका. तूं तुजें काम कर आनी गुपचूप वच.

चोर : हें पळय, तुमी आता नाटक करपाचें.

शोभा : तूं पार्ट करतलो? पूण नाटक खंयचें काडटलो?

कवी : तुमीच करात तीं नाटकां. हांव म्हजी कविता सोंपयतां.

मामी : मदींच नाटकशें येवजलें हाका ?

चोर : तुमका नाटक करचेंच पडटलें.

मामी : धमकायता सो मरे ! आमच्या घरांत येवन आमकांच धमकावण्यो?

शोभा : करुया गे ममी. आमी गॅदरिंगाक केल्लें तें करूया. म्हाका सगळें पाठ आसा तें. हांव शिकयतां तुमकां. पापा हीरो, आनी ममी तूं हिरोईन.

चोर : तसलें नाटक न्हय. हांव दार काडटां. कोणूय मनीस भितर येवं. ताका तुमी हांव चोर म्हणून दाखोवन दिवंक फावना. हांव तुमचो सोयरो अशें ताका सांगपाचें. कळळें ? कोण म्हणून सांगतले ?

सगळीं : सोयरो !

चोर : कसलो सोयरो ?

कवी : म्हजो बापूय.

चोर : नाका.

मामी : देर-

शोभा : मामा.

चोर : सारकें - मामा. तुजो कोण ? (मामीक)

मामी : भाव.

चोर : आनी तुजो कोण ? (कवीक)

कवी : मेवणो.

चोर : सारकें ! तुजे बायलेचो हांव कोण ?

कवी : भाव.

चोर : तुजे मामीचो हांव कोण?

शोभा : भाव.

चोर : आनी तुजो हांव कोण ?

मामी : चोर...

चोर : कितें ?

मामी : न्हय... भाव ! पूण म्हजो भाव चोर न्हय.

शोभा : म्हजो मामाय चोर न्हय.

कवी : म्हजो मेवणोय चोर न्हय.

चोर : आनी हांवूय चोर न्हय. हांव फकत तुमचो सोयरो. इतलेंच लक्षांत दवरपाचें. कळळें?

सगळीं : कळळें !

चोर : चुकून लेगीत कोणाच्या तोंडांतल्यान चोर म्हूण उतर भायर सरूंक फावना. कळळें ?

सगळीं : कळळें !

चोर : आनी ताका म्हजे चोरयेविशी कितेंय सांगशात जाल्यार ताच्या हुजरांच सुरो पोटांत घालपी. कळळें ?

सगळीं : कळळें !

(चोर दार उगडटा)

चोर : आं... ? हांगा तर कोणूच ना.

(चोराफाटसून हळूच दुदकार भितर सरता. ताका पळोवन चोर दार धांपून खिळी घालता)

दुदकार : (हांसता) म्हज्या कामांक लागून सदां म्हाकां रावूंक मेळनयना, म्हणून

वांयच दारार मारतय आनी मी वयतय. आयज मियां बी तिरीक काडली. सगळ्यांचा दूद वाटूंन बेगीनाच काबार केलंय आनी निमाणो हंयसर इलय. वांयच दारार माल्लय आनी गेल्या सारकां करून वगी कुशीक लिपून रवलय. आतां म्हाका दिसभर कांयच काम करूंचा ना. तीनय म्हयन्याचे पयशें घेतल्याशिवाय मियां कसोच जावचयना.

कवी : तुका पयशे दिवंक जाय हें खरें. पूण ह्या वेळार म्हजेकडेन आसात खंय?

दुदकार : तां मियां नकळय. म्हाका पयशे आयज व्हये म्हणचे व्हयेच.

कवी : फाल्या सकाळी यो आनी सगळे पयशे घेवन चल. आयज सांजे आमी आमचीं तिजोरी उगती करतले. तुका थोडे पयशे फुकट पसून दिवपी हांव.

दुदकार : नको. तसले हरामाचे पयशे म्हाका पचूचे नात. म्हाजे दुदाचेच पयशे म्हाका पचनय नात.

ममी : कशे पचतले ? दूद दिल्यार पचत. दिता सगळें उदक.

दुदकार : कोण आवशिचो सांगतय, म्हाजां दूद पातळ म्हणान ? म्हाजां दूद पातळ म्हाणांक छाती व्हयी. औतां दूदच तां. केवां केवां जाता पातळ. म्हणचे काय? म्हशी दिसभर पाणयांत बसतत, पाणी पितत, मगे दूद पातळ नातर काय शेण पातळ जातलां ? म्हाजां दूद पातळ लागलां तर इतको तेंप घेतलंय कित्याक. बंद करूंचां आसलां.

कवी : तुजें दूद दाटूच आशिल्लें रे. पूण आयचो एकूच दीस जर तूं रावशींत तर एक म्हसूच हाडून तुका दीन हांवं.

दुदकार : म्हाका कोणाची फुकटची म्हस नको. मी दुडु दितलय म्हस घेतलय. हिणें म्हाजां दूद पातळ म्हटलांच कसां? म्हाजां दूदं म्हणचे काय रामग्याचां - दूद दिसलां ? तो रामगो दुदांत उदक घालनयना, उदकांतूच दूद घालतय. तुमकां मांयती नांय ? पयर रामगो पयशाचां गाठोडां घेवन म्हसरां हाडूंक वचा आसलो. ह्याचां व्हडां उमथलां आनी गाठोडां बुडलां. पूण ह्यो रवलो. काय जालां ? पाणयांचे पयशे पाणयांत गेले.

शोभा : (दुसरी माण्णी) पापा, कित्याक ताची कटकट, दिवन उडोवया पयशे.

ममी : आमी पयशे लिपोवन दवरल्यात दिसलां कितें गो तुका ?

शोभा : म्हजेकडें आसात ममी थोडे पयशे, ताचो हिशोब करतां आनी आत्ताच दिवन उडयतां. आमच्या सोयऱ्या हुजरां केल्लो अपमान आमी कसो सोंसतली ? कितले जातात रे तुजे ?

दुदकार : एका म्हयन्याचे पन्नास रुपये, तीन म्हयन्याचे १५० रुपया जाले.

शोभा : हय गे ममी, इतले जातात ? राव, हांव पळयतां हिशोब करून (कादेन घेता आनी बरयता)

ममी : हांवें बरोवन दवरल्यात गो भितरल्या दारार.

शोभा : नाका ममी, म्हाकां याद आसा - हें पळय रे वाच बरें करून.

दुदकार : (वाचता) आमगेर चोर -

चोर : ये - दी कादेन. (झोपय मारून कादेन घेता)

दुदकार : ह्यो कोण तुमचो ?

कवी : हो... होच तो (चोर हळूच सुरो दाखयता) होच तो आमचो सोयरो.

दुदकार : म्हणचें कोणाचो कोण? हेका हंयसर केन्ना बघलोना.

कवी : तो हिजो - हिचो मेवणो-

दुदकार : काय ?

कवी : म्हजो मेवणो. हिचो भाव आनी हाचो....

शोभा : चोर.

चोर : कितें म्हळें ?

शोभा : मामा - मामा.

दुदकार : तिडकतत काय आनी मस्कऱ्यो काय करतत !

चोर : भुरगेपणा खूप आसा ताचेकडें. येदें व्हडलें जालें तरी भुरगेपणा वचनात. (ताच्या कानाक धरून) घोडी जाली घोडी.

दुदकार : तुमी मस्कऱ्या करात नातर आनीक काय बी करात. म्हाजे पयशे दी बगया बेगिना.

मामी : हे कायबऱ्यो कविता करतात जाणा ? (परतून नाटक)

कवी : आं... ! तूं आनी कविता ? (अजापला)

मामी : (दुदकाराक) तुका कविता कळनारे ?

दुदकार : कळटत... फुलपांखरू...

मामी : हांच्यो कविता वाचल्यात तुवें केन्ना ? तांची नवी कविता कितली सुंदर जाणा ?... आयज हांव चान्ने न्हालों.

कवी : वा - वा ! आयज हांव धन्य जालों.

दुदकार : आतां मातर बरां जालां.

मामी : आवडली मरे तुका ? हें पळयात, ताका एक तुमचें कवितेचें पुस्तक दियात.

कवी : व्हरता मरे ? चड न्हय. फकत वीस रुपया.

दुदकार : वीस रुपये ? चार वळी वाचूंक वीस रुपये? दुदकाराक नको तां. भजेकाराक दिल्यार बरां जातलां.

मामी : पयशे दिवनाका रे तूं. फुकटूच व्हर. तांकां भेट म्हणून तुमचें एक पुस्तक दिवचेनात ?

कवी : भेट ? दूद गुटलांवक तरी उपकारतलें ताका ?

मामी : अशें कितें ? ताका कळटात कविता ! हाचेर बरयात 'माये मोगाची भेट' आनी दियात ताका (कवि बरयता)

चोर : आरे दूदकार, हांगा यो. तुकां कितले पयशे दिवचे आसात.

दुदकार : दिडशे रुपयें.

चोर : (पयशे मेजून दिता) हे घे, आनी चल.

कवी : आयज हांव चान्ने न्हालों- पुनवेचें चान्ने न्हालों... (रंगता)

मामी : हें पुस्तक-

चोर : पुस्तक नाका - चल रे तू - (खिळी काडटा. दुदकार वता. भायल्यान अग्नी दारार उबो रावला. खिळी काडटांच भितर येता.)

मामी : आवयस ! अग्नी, तुमी आयले !

शोभा : पापा कोण आयला पळय. अग्नी !

कवी : अग्नी ?... हां... अग्नी सायब, आगो अग्नी न्हय अग्नीसायब.

मामी : अग्नीसायब, बसात न्हय.

अग्नी : कविराज, हांव तुमच्यो कविता आयकूंक येवनां. हें तुमचें सदचें म्हाका पाठ जालां. म्हाका बसोवप, कविता आयकोवप, म्हज्याच पसऱ्यावयली उदार हाडिल्ली च्या करून म्हाका घालप. आयज हांव तुमच्यो कविता आयकुचों ना. आयज हांव म्हजी कविता तुमका म्हणून दाखयतलों.

मामी : तुमी कविता केली?

शोभा : आतां तुमच्या पसऱ्यार गर्दीच जातली गिरायकांची.

अग्नी : फकणांपसून हांवं आयकून घेवचोंना आयज.

कवी : आगो शोभा, अग्नीसायबान आयज पयलेच खेप कविता केल्या आनी तूं फकणां कितें करत ? प्रोत्सान दिवंक जाय प्रोत्सान. कितें अग्नीसायब - न्हय, कवी म्हाराज. म्हणात, आयकुया तरी तुमची कविता. आमच्या हिकाय आयज अकस्मात कवितेची आवडशी निर्माण जाली ! शोभा आयज तूं च्या कर.

अग्नी : हांवें एकदां सांगलें, हांव च्या पिवचोंना. आयकात म्हजी कविता. हो नवो मनीस कोण तें पयलीं सांगात.

चोर : हे म्हजे भावोजी.

अग्नी : कोणूय आसूं. हांवं म्हजी कविता म्हणटलों खरो.

हांव अग्नी

अग्नी म्हणचें उजो
आयज तुजो करतां चुरो
गोड गोड उतरां सांगून
म्हजीच म्हाका च्या घालून
तुमी म्हाका भुलयलो.
म्हजीं फकणा मारून
म्हाका विसरायेर घालो.
पूण आयज...
आयज हांव विसरचोंना.
तुका कसोच सोडचोंना
पयशां बगर दुसरें
आयज हांव उलोवचोंना.
आयज दितां, फाल्या दितां
करीत करीत
आयज जाले
तीन म्हयने
पसऱ्यावेलें बील तेवटेन
वाडतवाडत गेलें
हिशोब मारून
पळे जाल्यार
चारशें रुपया जाले.
आता तुका निमाणे सांगतां
तुज्या बोल्सांत ना दमडी

हांव तुजी काडपी चामडी
आतांच्या आतां पयशे दिना
जाल्यार हांव
पुलीशेंत वतां

सगळीं : पुलिशेंत ?

अग्नी : हयवय ! पुलिशेंत !
पुलिशेंत वतां
केश करतां
आताच्या आतां,
इन्स्पेक्टराक घेवन
हांगा येतां
हाताक तुज्या
घालतां बेडी
कादयेंत घांलतां
बंदखणीत घांलतां
करतां तुजी कडी-तुजी कडी-कडी-कडी !

कवी : नाकां सायबा नाकां
अशें करू नाका.
जाय जाल्यार एक पुस्तक
तुज्या नांवान छापतां.
आयज आमगेर सोयरो आयला
सोयरो बायलेचो.
ताज्या हुजरां म्हाका घरून

कुंडो काडटा म्हजो ?
तुमच्या सारक्या म्हामनशाक
हें सोबना
हांव कवी, तुमीय कवी.
राग गिळून रावया वोगी
तुमचे पयशे हांव केन्नाच
दिना म्हणना
पूण आता वीख खावपाक
बोलसांत पानदुडू ना.
तू सांजे यो
धा वरांचेर यो
म्हजी एक तिजोरी आसा
खूब पोरणी, खूब पोरणी
तांतूंत खूप भांगरां आसात.
तुज्यान तोलूंक जांवचेंना.
आयज पयलेच खेप
तिजोरी म्हजी फोडटलों
सगळ्या लोकांचें रीण
फारीक करतलों
आनी हिमालयांत बसून
भजन करतलों - भजन करतलों - भजन करतलों.

अग्नी : दळडिऱ्या, कविराज म्हाका मारता पालीस ? असोच वतां आनी घेवन येतां पुलीस...

चोर : तूजें कितलें बील फारीक करपाचें आसा ?

अग्नी : तुका कित्याक राटावळी ? तू करता फारीक ?

चोर : हय. हांव करतां फारीक. पूण सांजे येवनाका.

अग्नी : उबे चारशें रुपया जातात.

चोर : (नोटी काडून दिता) घे. एक, दोन, तीन, चार. हें पळय दार.

अग्नी : आनी रावना. सामको चल्लों भायर. (वता)

कवी : आ... हा... ! आयज हांव चान्ने न्हालों... पुनवेचें चान्ने न्हालों. (रंगता)

(चोर दार धांपून खिळी घालता आनी दाराक तेंकून बसता. काळोख)

***

(... उजवाडांत कवी मेजार हातांत पेन घेवन न्हिदलेलो आसा. ममी आनी शोभा बसल्यांत. चोर दाराक तेंकून बसला घड्याळाची अलार्म वाजता. चोर अलार्म बंद करता आनी उठ्ठा)

चोर : (कवीक उठयता) ये मिस्टर. धा वरां जालीं. चल ऊठ.

कवी : अं... ? तूं अजून हांगाच आसा दिसता.

चोर : ऊठ - ऊठ धा जालीं.

मामी : चलात आता. दाखयात ताका तिजोरी -चोर, नागोवणो, तुजें बरें जावं नाका.

शोभा : तशें म्हणू नाका गे ममी. तो मागीर रागान आमका कांयच दवरचोना.

चोर : ये - चल बेगीन, म्हाका उशीर जाता.

कवी : खंय वच म्हणटा रे ?

चोर : भायर यो. म्हाका तिजोरी दाखय. चल-

(सुरो काडटा)

कवी : येतां. तो सुरो मात्सो फाटी काड - चल.

चोर : तुमी हांगाच रावात.

शोभा : आमीय येतात मरे.

चोर : गरज ना.

मामी : आमचीं भांगरा - आमकां पळोवपाचोय हक्क ना ?

चोर : थंयच रावात (दार धांपून भायल्यान खिळी घालता.)

कवी : येवंदी रे तांकां - खिळी कित्याक घाली ? दोळेभर पळोवंदी तरी तांकां.

चोर : चल. दाखय तिजोरी.

(काळोख. चान्न्याचो उजवाड)

कवी : यो, असो यो - हांगा उबो राव - वयर पळय.

चोर : वयर कितें आसा ?

कवी : तो पळय. केदो व्हडलो चपलाहार, ह्या पोंताक साकून त्या पोंताक पातळळा. हीं कानातलीं, हीं नाकांतलीं, हे भांगतिळे, हे बाजुबंद, ह्यो सरपळ्यो, मुदयो आनी हे सगलें उणें पडटा जाल्यार ह्या भांगरागुळ्याचे कुडके काडून जाय तसल्यो आनी जाय तितल्यो, वस्ती करू येतात.

चोर : ये - म्हाका तीन पानां करू नाका - पयली तिजोरी खंय लिपोवन दवरल्या ती सांग. नाजाल्यार सुरो पोटांत घालतोलों.

कवी : खरेंच, म्हज्या गळ्याचो सोपूत घेवन सांगतां. म्हजेकडेन तिजोरी आशिल्ली जाल्यार आयज आमी जमनीक पोट तेंकोवन न्हिदचीं नाशिल्ली. न्हेसूंक ना म्हणून म्हजी धूव कॉलेजीक वचची उरची नाशिल्ली.

चोर : तुजेकडेन कांयच ना तर ?

कवी : ना कशें ? आसा. ह्या मळबांत दिसता तें म्हजें धन. ही तिजोरी सदांच रातची उगती आसता. हें धन कोणेंय लुटचें -- तांक आसा ताणे लुटचें. चल, जाय तितलें घेवन वच.

चोर : ह्या कवीन म्हाका पणस दाखयलो.

कवी : आयज हांव चान्ने न्हालों. चंद्रिमाचो शाबू लावन भांगराचें उदक न्हालों

चोर : ये कवड्या, आयचो म्हजो सगळो दीस तुवें व्हगडायलो. दुसऱ्या कोणागेर तरी वचून हात मारतलों आसलों तेंय ना केलें.. दुदकाराचे देडशें आनी पसरकाराचे चारशें रुपया हांवे फारीक केले. पयली म्हजे साडेपांचशें रुपया दी, नाजाल्यार ह्याच चान्याच्या उजवाडांत तुजो जीव घेतां.

(सुरो मारूंक उबारता, इतल्यान दुदकार, पसरकार, शोभा आनी ममी चारूय दिकांनी येतात. दुदकाराच्या हातांत पारय आसा, पसरकाराच्या हातांत कुदळ, ममीच्या हातांत चिमटो, जाल्यार शोभाच्या हातांत दांडो आसा. सगळीं चोरावटेन एक एक पावल मारीत येतात, तसो चोर गळसणटा. हातांतलो सुरो गळून पडटा.)

चोर : नाका. म्हाका पयशे नाकात, तिजोरी नाका. भांगर नाका, कांय नाका. सोडात म्हाका. हांव वतां म्हजे वाटेन. सोडात म्हाका.

(सगळे जाण ताका राजवान घट बांदून घालतात)

अग्नी : कवी म्हाराज, पुलीस ताजी करतले कडी. तुजी दाखय पळोवया तिजोरी. हांव करतां उकती.

दुदकार : भिवचां कारण ना. तुजां तुका गावतलां. दाखय बगया तिजोरी.

मामी : पळयतात कितें अशे ? देव कशे पावले ते आमका. नाजाल्यार ते चोर तिजोरी पुसून वतलो आशिल्लो. हांवे ताकां उतर दिल्लें, तिजोरी वाटायशात जाल्यार तुमका कितेंय दितलें म्हूण.

दुदकार : म्हाका चार कांकणां दिली की पुरे.

अग्नी : कोणाक कितें दिवपाचें तें हांव पळयतां. तू फकत तिजोरी खंय आसा तें दाखय.

कवी : तिजोरी उगतीच आसा. तुमका जाय तितलें व्हरात.

सगळीं : (सोदतात) खंय आसा ? - खंय आसा?

कवी : आरे तुमच्या दोळ्यामुखार तिजोरी उगती पडल्या, आनी तुमका दिसना? त्या अलंकाराच्या झगझगान अख्खे पृथ्वीचेर शितळ उजवाड पडला आनी तुमका तिजोरी दिसना ? आरे तुमच्या दोळ्यांतली नदर इतली अशक्त कशी जाली ?

अग्नी : तिजोरी उगती आसा ? उजवाड पडला ? आरे तिजोरीवटेन मात्शें बोट तरी दाखय रे.

कवी : ही कितें? मळबांत ! कितले अलंकार भरल्यात पळय ते तिजोरेंत. दार ना, धांपण ना, चावी ना, उगतीच आसा. चलात लुटात, जाय जाय तें घेंवन वचात. (सगळे निर्शेतात)

आयज हांव चान्ने न्हालों.
पुनवेचें चान्ने न्हालों
चंद्रिमाचो शाबू लावंन
भांगराचें उदक न्हालों
आयज हांव चान्ने न्हालों.

-सोंपता-

हीं भुरगीं
पांखरां कशीं
आनंद पिक्षीं
शब्दवनांत

राजहंस वितरण

बघा पुस्तकांची पंगत ! धरा आमची संगत !!